## मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं विद्या शिक्षा केंद्राचें उक्तावण

ता. 19 ऑक्टोबर 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरीच्या राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळात विद्या समीक्षा केंद्राचें उक्तावण केले. म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री श्री रोहन खंवटे, आमदार आनी इन्फो टेक कॉर्पोरेशनचे अध्यक्ष डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, शिक्षण सचीव श्री प्रसाद लोलयेकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान विद्या समीक्षा केंद्राची सुरवात करून गोंय राज्यान शिक्षणाच्या मळार नव्या क्रांतीच्या टप्प्यात प्रवेश केल्लो आसून तंत्रज्ञान आनी इनोव्हेशन उपक्रमांतल्यान शिक्षणीक क्रांती घडोवप हे प्रधानमंत्र्यांचे व्हिजन आशिल्ल्याचें सांगलें.

विद्या समीक्षा केंद्रा वतीन जिल्हो, ब्लॉक आनी वैयक्तिक शाळांखातीर डॅशबोर्ड आनी रिपोर्ट दितले. हो रिअल-टाइम डेटा विद्यार्थ्यांची प्रगती, शिक्षक प्रशिक्षण आनी एकंदरीत शाळांच्या प्रगतीची म्हायती दितलो, अशें तांणी सांगलें.

अध्यापन ही एक सतत प्रक्रिया आसून ज्या खातीर शिकप आनी सुधारणा करपा खातीर समर्पणाची गरज आसा. विद्यार्थ्यांच्यो गरजो पूर्ण करपाक आनी तांकां भविष्यातली आव्हानां आनी संधींखातीर तयार करपा खातीर ही निरंतर प्रक्रिया आवश्यक आसा. गुजरात राज्याउपरांत गोंय हे विद्या समीक्षा केंद्र सुरू करपी दुसरे राज्य आसा. जे विद्यार्थी अभ्यासात फाटी पडटा तांचे खातीर रेमेडीयल वर्ग घेवपाचे निर्देश शिक्षण संचालनालयाक केल्ल्याचेंय तांणी सांगलें.

स्विफ्टचॅट एआय बॉट्स शिक्षण आमचें विद्यार्थी संपूर्ण, आमचे शिक्षक समर्थ आनी प्रशासकांक फुडे वचपाक सशक्त करतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यांन सांगलें.

शिक्षण संचालक श्री शैलेश सिनाय झिंगडे, एससीईआरटी चे संचालक श्री शंभू घाडी, Conve Genius चे सह-संस्थापक आनी CEO श्री जयराज भट्टाचार्य हेवूय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

गोवा समग्र शिक्षा राज्य समन्वयक श्री जॉन सिल्वेरा हांणी कार्यक्रमाचें सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/820

-

-

-

-

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.